भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# सुंदर राणी एस्थर

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

एकदां एस्थर नांवाची एक सोबीत चली आशिल्ली.
तिचो बापूय आनी आवय मेली तेन्ना एस्थराचो मामेभाव मोर्दकायान तिका वाडयलो. एस्थरान आपल्या मामेभावाक एक बरी धूव म्हूण आदन्या पालन करून ताचो भोवमान केलो.





एस्थर पर्शियात रावताली. पूण, एस्थर फार्सी नाशिल्ली. ती ज्यू आशिल्ली. तिचे पूर्वज झुजाबंदी म्हणून पर्शियात आयले. एस्थराच्या काळांत पर्शियात जायते ज्यू लोक रावताले.



पर्शियाच्या राजान संवसारांतल्या राजकुंवरांक व्हड मेजवानी केली.

राणी वष्टी वांगडा बायलो आनी दादले वेगळे जेवले. राजा पिल्लो आसतना राणी वष्टीक राजमुकुट घालून आपली सोबीतकाय दाखोवपाचो आदेश दिलो. राणी वष्टीन न्हयकार दिलो.

बायलांन आपल्या
घोवाक मान दिवचो हें
दाखोवपा खातीर राजान
एक कायदो केलो आनी
तातूंत वश्तीचो मुकूट
घेतलो. ती आतां राणी
नाशिल्ली.



नव्या राणीचो सोद
लागलो. राज्यांतल्या
सगळ्या सोबीत चलयां
मदल्यान राजान
एस्थराक आपली बायल
म्हूण वेंचून काडली.
ताणें तिचे तकलेर
राजमुकुट घालो.
एस्थररान राजाक
आपूण ज्यू म्हण सांगलें
ना, कारण तिच्या
मामेभावान तिका
न्हयकार दिलो.



मामेभाव मोर्दकाय एस्थराची खबर आयकुपाक राजवाड्याच्या प्रवेशदाराचेर आपलो वेळ सारतालो.



एक दीस ताणें राजवाड्याचे दोन नोकर राजाचो खून करपाची येवजण करताले ते आयकलें. मोर्दकैन एक शिटकावणी धाडली आनी ताका लागून राजाचो जीव वाटावलो. नोकरांक फांशी दिली आनी राजाच्या नोंदी पुस्तकांत मोर्देकाचें नांव बरयलें.

राजाक दुसरें आज्ञाधारक हामान नांवाचो एक गिरेस्त मनीस आशिल्लो. हामान थंयच्यान वता तेन्ना सगळ्यांनी नमस्कार केलो. सगळे - एक मनीस सोडून. ज्यू म्हणून मोर्देकाय फकत जिव्या देवाचीच पुजा करतालो.



हामान मोर्दकायाचो इतलो दुस्वास करतालो की ताणें ताका आनी पर्शियातल्या सगळ्या ज्यू लोकांक मारपाचें थारायलें. कितलें भयानक! वायट हामानान राजाक फटोवन एका खाशेल्या वेळार राज्यांतल्या दर
एका ज्यू मनशाक मारून
उडोवपाचो
कायदो केलो.





तो एक भयानक कायदो आशिल्लो. ज्यू आनी इराणी दोगूय लोक शोक करताले. पूण याद दवरात - देवान एस्थराक राणी केल्ली. आनी ती एक ज्यू आशिल्ली. ती राजा कडल्यान आपलें गुपीत दवरतली काय? वा, आपल्या लोकांक वाचवपाक ती मरपाक तयार आसतली?

देवान एस्थराक एक हुशार कल्पना दिली. तिणें राजाक आनी हामानाक मेजवानीक आपयलो. थंय राजान तिका कितेंय माग तें उतर दिलें. “राजा आनी हामान फाल्यां मेजवानीक येवचें . . .” एस्थरान जाप दिली. मागीर ती राजाक कितें जाय तें सांगतली.



मजगतीं, हामानान मोर्दकायाक फांशी दिवपा खातीर एक व्हड फांशी तयार केली.





त्या राती राजाक न्हीद येली ना.
न्यायालयांतले नोंदी वाचून ताका दिसलें
की मोर्दकायाक आपलो जीव वाटावपा
खातीर केन्नाच इनाम मेळूंक ना.
दुसऱ्या दिसा सकाळीं राजान
हामानाक विचारलें,
“राजाक मान
दिवपाक आवडटा त्या
मनशाक कितें करचें?”
हामान खोशी जालो.
ताका दिसलें राजा आपलें
विशीं उलयता!

हामान मोर्दकायाक फांशी दिवपाची राजाची परवानगी मागपाक आयिल्लो. फांशी सगळी तयार जाल्ली. आतां तें वाट पळोवंक शकता. उमेदीन हामानान आपल्यो सुचोवण्यो ओतल्यो. “त्या मनशाक राजाचो चोळो आनी मुकुट घालचो.”



“ताका राजाच्या घोड्याचेर बसय. त्या मनशाक सगळ्यांक पळोवपाक शारांतल्यान व्हरपाची आदन्या एका राजकुंवराक दिवची.” “बेगीन वच आनी ज्यू मोर्दकायाक तशेंच कर” राजान हामानाक आदन्या केली.



मोर्दकाय शारांत मानान व्हरतना हामानाक कशें दिसलें अशें तुमकां दिसता? आतां पयलीं परस तो मोर्दकायाचो चड दुस्वास करतालो. “फकत थांब” हामानाक दिसलें आसूं येता. “तो बेगीन मरतलो - हेर सगळ्या ज्यू लोकां वांगडा.”



उपरांत त्या दिसा हामान आनी राजा, राणी एस्थराच्या मेजवानींत पावले. “तुमची याचिका कितें?” राजान विचारलें. ताणें आपलें उतर विसरूंक नाशिल्लें. हामानाक दाखोवन, राणी एस्थरान, राजाक हामानाच्या वायट कटाची सगळी गजाल सांगली. “ताका फांशी दिवची!” राजान म्हणलें.



उपरांत राजान ज्यू लोकांक आपली राखण करपाक, आनीक एक कायदो केलो. तांकां वाचयले! मोर्देकाय राजा उपरांत दुसरो सेनापती जालो आनी सगळे ज्यू खोशी जावन एकामेकांक भेटवस्तू दिवपाक लागले. आयज लेगीत ज्यू लोकांक सोबीत राणी एस्थराच्या माध्यमांतल्यान देवान तांकां कशे वाचयले तें याद आसा.



# सुंदर राणी एस्थर

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

एस्थर

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16